24 April 2026 7.20pm

## मुखेलमंत्री

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज कुशावती आनी साळावली ह्या नावाच्यो दोन फेरी बोटीचे लोकार्पण जाले.बेती - पणजी रूटाचेर ह्यो फेरी बोटी सवा दीतल्यो.ह्या रूटार चड प्रवाशी आशील्ल्यान फेरीबोटी वाडोवच्यो अशी मागणी ह्यानपयली थळाव्या पंचायतीन केल्ली.ह्या वेळर न्हय येरादारी मंत्री सुभाश फळदेसाय,साळगांवचे आमदार केदार नायक,जिल्हो पंचायत वांगडी रेश्मा बांदोडकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.फेरीबोटीच्या लोकार्पणा उपरांत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचो वाढदीस मनवपाच्या हेतान केक कटींग कार्यावळ जाली.गोंय सरकार गोंयकारांक बरी सुविधा दीवपाक महत्व दीता.ह्यो फेरी बोटी ह्या न्हय येरादारी मार्गाचो उपेग करपी मनशांखातीर महत्वाच्यो थारतल्यो अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

## रविंद्र भवन सांखळींचे

सांखळींचे रविंद्र भवन हो दिवचल आनी सत्तरी तालुक्या खातीर कला आनी संस्कृतायेचो पूल थारला. राज्यांतल्या सगळ्या रविंद्र भवनां मदीं सांखळी रवींद्र भवन सगळ्यांत बरे अशें मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.रवींद्र भवनांत अतिरिक्त सुविधां खातीरच्या कामाचो बुन्यादि फातर घालपाच्या सुवाळ्यांत ते उलयताले, ह्या सुविधांचो लोकांक फायदो जातलो.ह्या कार्यावालिक सांखळी नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभु पोरोब आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले.

## कॉंग्रेस फुडार

कॉंग्रेस फुडाऱ्यांनी शिरगांवचे लयराई आनी म्हापशेंची मिलाग्रीस सायबीणच्या थळाक भेट दिवन गोंयचे जनतेच्या बऱ्या खातीर प्रार्थना केली. विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, कुंकळ्ळीचे आमदार एल्टन डिकॉस्ट हांचे वांगडा कॉंग्रेसीच्या वरीश्ठ फुडाऱ्यांक वांगडा घेवन शिरगांवच्या श्री देवी लयराई देवूळ आनी म्हापशेंची मिलाग्रेस सायबीणहांगा भेट दिली. दोनूय सुवातांचेर फुडाऱ्यांनी गोंयच्या लोकांची शांतता,

समृद्धी आनी सर्वांगीण कल्याणा खातीर आशीर्वादाची मागणी करीत प्रार्थना केली. ही भेट, विविधतेंतल्या एकवटाचो, गोंयचे समृद्ध परंपरेचो आदर आनी स्विकार करीत, राज्याच्या सांस्कृतीक आनी जातीय एकचारा प्रती  कॉंग्रेस पक्षाची वचनबद्धताय दाखयता अशें युरी आलेमाव हांणी म्हणलें.

<u>करिअर जागोर</u>

गोंय राज्य शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळान सगल्या शाळांनी चालीक लायिल्ली करिअर जागोर कार्यावळ आयज श्री अमेय उच्च माध्यमिक विद्यालय कुर्टी फोंडा हांगा संपन्न जाली. अमेय विद्याप्रसारक मंडळाची उच्च माध्यमीक शाळा आनी दादा वैद्य हायस्कुल कुर्टी फोंडा ह्या शाळांचे धावे आनी बारावेचे सगळे विद्यार्थी ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. धावेची परिक्षा दिल्ल्या विद्यार्थ्यांनीय ह्या करिअर मार्गदर्शन सत्रांत वांटो घेतलो. दरेकल्याक बुद्धी आनी कार्यक्षमताय आसता, पूण करिअराच्या यशा खातीर वृत्ती खूब म्हत्वाची आसता अशें ह्या वेळार उलोवप्यांनी सांगलें. अमेय उच्च माध्यमीक शाळेची करिअर राजदूत दीप्ती वायंगणकार हांणी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. 10 व्या वर्गांतल्यान इकरावी वर्गांत वतना इश्टांच्या सल्ल्यान न्हय तर आपल्या आवडीच्या विशयांत अभ्यास करचो अशें वायंगंणकर हांणी सांगलें. ह्या वेळार दादा वैद्य हायस्कुलाची करिअर राजदूत प्रतिभा नायक हाजीर आशिल्ली. दादा वैद्य हायस्कुल पालक संघटनेचे अध्यक्ष नामदेव नायक आनी अमेय उच्च माध्यमिक शाळा पालक संघटनेचे उपाध्यक्ष सनीशा गावडे हांणी करिअर जागोर पुस्तिका प्रदर्शीत केली. ह्या पुस्तिकेत क्यूआर कोडांतल्यान जायत्या शिक्षणीक कार्यावळी आनी अभ्यासक्रमांची म्हायती मेळूं येता अशें तांणी सांगलें. दादा वैद्य हायस्कुलाची मुख्याध्यापिका सुषमा पाटील हांणी सगळ्यांचे उपकार मानले.

<u>धावी परीक्षा निकाल</u>

गोंय शालान्त मंडळान घेतील्लया यत्ता धावेच्या परीक्षेचो निकाला आयतारा 26 एप्रिलाक सांजे 5 वराचेर पर्वरी हांगा शालान्त मंडळाच्या मंथन सभाघरात जाहीर जातलो. ही परीक्षा 13 मार्च 2026 ते 9 एप्रील 2026 मेरेन राज्यातल्या 32 केंद्रांनी जाल्ली. 10819 विद्यार्थी आनी 9840 विद्यार्थीनी मेळोन 20659 विद्यार्थ्यांनी ही परीक्षा दिल्ली. हे भायर खासगी विद्यार्थी लेगीत परीक्षेक बशिल्ले. धावेचो निकाल

शालान्त मंडळाच्या संकेतळाचेर www.gbshse.in लेगीत उपलब्ध जातलो, अशें मंडळान कळीत केलां.

<u>मलेरिया निर्मुलानाचो</u>

गोंयांत 2022 सावन मलेरिया ह्या दुयेसाचे प्रमाण शून्य जाला ताका लागून राज्याक मलेरिया निर्मुलानाचो दर्जो मेळु येता अशी म्हायती व्हॅक्टर-बोर्न रोग नियंत्रणाचे प्रभारी भलायकी अधिकारी डॉ कल्पना महात्मे हांणी दिली. संवसारीक मलेरिया दिसाच्या कार्यावळी ती उलयताली.राज्य अधिकाऱ्यांनी आतां पयलें पावल म्हूण दक्षिण गोंय जिल्ह्याक मलेरिया निर्मुलानाचो दर्जो दिवपा खातीर अर्ज केला अशीय म्हायती तीणै दील्या

<u>बोंडला इलॅक्ट्रिक बग्गी</u>

बोंडला प्राणिसंग्रहालयाक भेट दिवपी पर्यटकांक आतां हांगा फिरप चड सोयीचें जातलें. रानखात्यान पर्यटकांच्या सोयेखातीर स (6) आसनांची वेवस्था आशिल्ली इलॅक्ट्रिक बग्गी सेवा सुरू केल्या. गोंय राज्य रानविकास महामंडळाचे अध्यक्ष आमदार देविया राणे हांच्या हस्तुकीं ह्या बग्गीचें हल्लीच उक्तावण जालें.बोंडला अभयारण्यांत व्हड संख्येन पर्यटक रानवटी जनावरां पळोवपाक व्हडा उमेदीन येतात. सगळे प्राणी पळोवपाचे जाल्यार खूब पांयपीट करची पडटा. ह्या इलॅक्ट्रिक बग्गीक लागून ज्येश्ठ नागरिक, ल्हान भुरगीं सयत कुटुंबीक सहल आनी पर्यटनाक येवपी पर्यटकांक बोंडलाची भोंवडी चड सोयीची जातली.प्राणिसंग्रहालया सयत हांगाच्या निसर्ग पर्यटनाच्या हेतान कुटीरांनी रावपी पर्यटकांक लेगीत वचप-येवप सोंपें जातलें. बोंडला प्राणिसंग्रहालयांत सुरू जाल्ल्या भितरल्या बग्गी येरादारीक लागून पर्यटनाक आनीक चालना मेळटली अशें विस्वास आमदार देविया राणे हांणी उक्तायलो.ह्या वेळार प्रधान रानपाल कमल दत्ता, मुखेल रानपाल प्रवीण कुमार, अमर हेबळेकर आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.
भलायकी तपासणी शिबीर

फोंडा हांगच्या खांडेपारच्या एम. आय. बी. के. हायस्कुलान भलायकी तपासणी आनी रक्तदान शिबिराचें आयोजन केल्लें. रोटरी क्लब ऑफ पणजी, कुर्टी-खांडेपार पंचायत, इंडीयन रेड क्रॉस सोसायटी (गोंय), हेल्थवे नर्सिंग होम (फोंडा) आनी एएसजी (ASG) आय हॉस्पिटल हांच्या जोड पालवान हो उपक्रम राबयलो. हें शिबीर सर्गेस्त श्री.

नरसिंह खांडेपारकार हांच्या उगडासाक आनी तांच्या 100 वर्सांच्या गौरवशाली वारशाच्या निमितान आयोजीत केल्लें. ह्या वेळार रोटरी क्लब ऑफ पणजीचे अध्यक्ष प्रशांत कयसरे, इंडीयन रेड क्रॉस सोसायटी (गोंय) चे अध्यक्ष गौरीश धोंड आनी वेवस्थापन समितीचे वांगडी सलीम इसानी आनी हेर समाजसेवक हाजीर आशिल्ले.

<u>कालोवणी</u>

आकाशवाणीपणजी केंद्राच्या खबर विभागावरवी कंत्राटी पाधातीचेर खबरा निवेदक घेव्पाचे आसात .पात्र उमेदवाराकडल्यान त्या खातीर अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचे असा . तशेच पिराय २१ ते 50 वर्सा आसपाक जाय . अर्ज करपाची निमाणी तारीक १७ मे २०२६ आसा.

<u>हवामान</u>

हवामान खात्याने २४ ते २६ एप्रिल ह्या काळान राज्यात वादळी पाऊस, जोगला आणि वराक ३० ते ४० किमी वेगाचो वारो व्हाव्पाचो अजमास उक्तायला. उत्तर आणि दक्षिण गोयात काय जाग्यान्चेर या स्थितीचो परिणाम जाणवतलो . याच काळात उष्ण आनी दमट हवामान कायम उरून नागरिकांक गर्मीचो त्रास जाव्पाची शक्यता आसा.. २७ ते ३० एप्रिलदरम्यान हवामान स्थिर रावपाचो अजमास आसा . नागरिकांनी वादळी हवामानात सुरक्षित ठिकाणी रावचे , विजेपासून सावध राहावे, दर्यादेगर वचप ताळचे आणि उष्णतेपासून बचावाखातीर उदक पिव्चे , असे आवाहन हवामान खात्यान केला.